।। अथ श्रीसाईसच्चरीत ।। अध्याय ९ ।।

।। श्रीगणेशाय नमः ।। श्रीसरस्वत्यै नमः ।। श्रीगुरूभ्यो नमः ।। श्रीकुलदेवतायै नमः ।। श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ।। श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ।। आतां फाटले कथेचें आख्यान । मेळळे बगर बाबांचें आज्ञापन । भक्त जर वचत परतून । कशे ते दुख्खी जाताले ।।१।। तशीच बाबांची भिक्षावृत्ती । जीणभर चलयिल्ली ती । [१]पंचसुना बी पापनिवृत्ती । कल्याणा खातीर भक्तांच्या ।।२।। तशेच आब्रह्मस्थावरांत । साईंच सगल्याक [२]अनुस्यूत । साईच जावन कृपावंत । सर्वव्यापक भगवंत हें सांगताले ।।३।। म्हणुनूच सकल श्रोत्यां कडेन । मागतां हांव नमळायेन । भक्तीन आयकल्यार ह्यो कथा पावन । जातलें जिणेचें तुमचे कल्याण ।।४।। शिरडी यात्रेची एक खास खबर । बाबांची आज्ञा जाले बगर । भावीक परत गेलो जाल्यार । दिता आमंत्रण विघ्नाक ।।५।। तशीच एकदां आज्ञा जातकूच । पडटा भक्ताक वच्चोच । रावलो जाल्यार माथ्यार विघ्नूच । अणभव अनेकांक आयला हो ।।६।। आज्ञे भायर जे जे वागले । वाटेर तांचे हाल जाले । अनेकांक चोरांनी लुटले । उरली याद जल्माची ।।७।। भाकर इल्ली खावन वच म्हणल्यार । कोणूय जर सरले उपाशींच भायर* । गाडी चुकून उरिल्ले भुकेल्ल्या पोटार । साबार भक्तांक पळयल्यात ।।८।। एकदां पाटील तात्या

१. कांडप, चूल, दळण, उदक भरप आनी शेण सारवण. २. अखंडीत वचपी.

*एकदां तात्यासाहेब नूलकर आनी भाऊसाहेब दीक्षित हांचीं घरचीं शिरडीच्यान वचपाचीं आसलीं. म्हाराजांनी तांकां, ''फाल्यां सकाळीं वचात आनी वतना कोपरगांवच्यान जेवन वचात'' अशें सांगलें. ते प्रमाण तांणी तयारी केली आनी कोपरगांवचे खाणावळींत तयारी दवरपाचे नदरेन रेकाद (फुडल्या पानाचेर)

कोतेक । वचपाचें आसलें सप्तकी बाजाराक । भायर सरले वचपाक कोपरगांवाक । आयले ते आदीं मशिदींत ॥९॥ टांगो दवरलो उबो करून । घेतलें बाबांचें दर्शन । पांयां पडले येतां म्हणून । केलें धोंग आज्ञा घेवपाचें ॥१०॥ भक्तांनी केली जरीय टाळाटाळ । बाबा जाणटाले वेळ काळ । पळोवन तात्याक उतावीळ । म्हणलें राव कांय खीण ॥११॥ आसुं दी जातलो बाजार । वचूं नाका गांवा भायर । पूण तात्या नाशिल्ल्यान आयकुपाक तयार । म्हणलें व्हर वांगडा श्यामाक ॥१२॥ कितें श्यामाची गरज म्हणून । मानलिना बाबांची आज्ञा तात्यान । बसले वचून टांग्यांत आपूण । वचपा खातीर बाजाराक ॥१३॥ दोनूय घोड्यां मदीं एक चपळ । रुपया तीनशांचें फाटबळ । पावले जेन्ना बांय कडेन साऊळ । लागले उधळिल्ले भशेन धांवपाक ॥१४॥ केन्ना खावन नकळो जो चाबूक । खिणांत पावपी बाजाराक । घोड्याक कमरांत भरली लचक । पडलो आडवो अचकीत ॥१५॥ कसलो

(फाटल्या पाना वयल्यान) *धाडलो. पूण कोपरगांवाक पावले तेन्ना जेवण तयार नासलें आनी गाडयेचो वेळ लागीं पाविल्लो. ताका लागून उपाशींच स्टेशनाचेर गेले. थंय वचून पळयता जाल्यार गाडी देड वर उसरां येवपाची आसली. मागीर गांवांत टांगो धाडलो. टांगेवालो ब्राह्मण आसलो. ताकाच सांगून खाणावळींतल्यान जेवण हाडलें आनी सगलीं स्टेशनाचेरूच जेवलीं. ताचे उपरांत धा मिनटांनी गाडी आयली.

आतां हाचे उरफाटो प्रकार पळयात. -

एकदां रघुवीर भास्कर पुरंदरे आपल्या घरच्यां सयत म्हाराजांच्या दर्शनाक गेल्ले. येतना तांचे आवयन आगरो केल्ल्यान तांणी नासकाक वचपाक आज्ञा मागली. म्हाराजान सांगलें, ''वचात, दोन दीस रावात आनी मुखार वचात.'' ते प्रमाण सगली मंडळी नासकाक गेली. त्याच दिसा तांच्या धाकल्या भावाक कडकडीत जोर आयलो. सगलीं भियेलीं आनी बेगोबेग मुंबय परत वचुया अशें म्हणपाक लागलीं. तांचे पुरयतूय तशेंच म्हणपाक लागले. पूण पुरंदरेची बाबांचेर भोव श्रद्धा आसली. तांणी सांगलें, ''म्हाराजांनी दोन दीस रावपाक सांगलां. ते दोन दीस जाले बगर आपूण हांगाच्यान हालचों ना.'' उपाय नाशिल्ल्यान सगल्यांक थंय रावचें पडलें. दुसऱ्या दिसा भावाचो जोर आपशींच गेलो आनी तिसऱ्या दिसा ती मंडळी सुखान मुंबय येवन पावली.

बाजार कसलें कितें । तात्याक स्मरलें उतर साईंचें । आयकल्लें जाल्यार संकश्ट टळपाचें । पूण नासलो आतां उपाय ॥१६॥ अशेंच आनीक एकदां घडलें । तात्या कोल्हार गांवाक वताले । टांगो थांबोवन विचारपाक आयले । पडले पांयां बाबांच्या ॥१७॥ आतां वचून येतां म्हणलें । पूर्ण अनुमोदन मेळूंक नासलें । तरीय तात्या तशेच गेले । आयकात घडलें कितें फुडें ॥१८॥ टांगो पयलींच तो भिरकेचो । बेफाम उधळत धांवत सुटलो । पळयनासतना फातर खळगो । संकश्ट व्हड जिवा वयलें ॥१९॥ पूण साईकृपेन प्रसंग टळळो । टांगो झाडाचेर आदळळो । बरें जालें थंयच मोडलो । टळळें फुडलें अरिश्ट ॥२०॥ असोच एक मनीस मुंबयचो । थोर गृहस्थ आंग्लभुमीचो । मनांत धरून हेत कसलोसो । आयलो दर्शनाक साईंच्या ॥२१॥ वळखतालो तो चांदोरकराक । पत्र धाडलें माधवरावाक । घेतलो मागून तंबू एक । जालो राबितो सुखाचो ॥२२॥ कोणूय बाबांचे इत्शे आड । दर्शन जर घेवंक सोदीत । मेळनासलें ताका तें सुखांत । अशक्य हें जाणटात सगले ॥२३॥ यत्न केले परत परत । वचपाचे तीन फावटीं मशिदींत । पूण गेले सगले फुकट । सोयरो मनांत निरशेलो ॥२४॥ इत्सा आसली ताच्या मनांत । वचून वयर मशिदींत । लावन बाबांच्या पांयांक हात । दर्शन घेवपाची उपाट ॥२५॥ इत्सा ताची अशी अपार । जालिना ती कशीच पूर्ण । घेतलोना मशिदी भितर । बाबान ताका कसोच ॥२६॥ सकयल सभामाटवांतूच रावचें । जाय जाल्यार थंयच बसचें । दर्शन थंयच्यानूच घेवचें । पूण वयर येवचें न्हय कशेंच ॥२७॥ निरशेवन तो वचपाक उठलो । आंगणांत निरोप मागपाक आयलो । फाल्यां सकाळीं वच म्हणलो । कित्याक ताकतीक इतली ॥२८॥ लोकांनीय बरेंच सांगलें । तरातरांनी समजायलें ।आज्ञा जाले बगर जे गेले । पडले त्रासांत म्हणून ॥२९॥ घडोवप्या मुखार कोणाचें चलना । मनाक

ताच्या तें पटलेंना । आज्ञा ताणें मानलिना । जाले हाल वाटेर ॥३०॥ सुरवातीक गाडी बरी चल्ली । मुखार घोड्यांनी वाट सोडली । [१]साऊळ बांयची शीम मात हुपली । आयली दुचाकी एक मुखार ॥३१॥ गृहस्थ फाटल्यान बशिल्लो । टांगो अचकीत गडगडलो । तोल वचून उमथलो । गेलो तसोच घश्टत ॥३२॥ व्हड यत्नांनी थांबयलो । गृहस्थ बरोच झरकटलो । मागीर उखलून टांग्यांत बसयलो । लागलो फुडले वाटेक ॥३३॥ शिरडी उरली एके वटेन । मुंबय उरली दुसरे वटेन । कोपरगांवांत हॉस्पिटला वाटेन । गेले घेवन तो टांगो ॥३४॥ आसूं, थंय कांय दीस । गृहस्थ उरलो उपचार घेत । आज्ञा मोडिल्ल्याचें प्रायश्चीत्त । भोग नशिबाचे भोगीत ॥३५॥ अशे असंख्य अणभव आयले । लोक मागीर दुबावूंक लागले । आज्ञा बाबांची पाळपाक लागले । केलेंना धाडस ती मोडपाचें ॥३६॥ कोणाचे गाडयेचें चाक सुटलें* । कोणाचे ते घोडे अडले । गाडयो चुकून उपाशीं पडले । घडल्यो हालअपेश्टा अनेकांक ॥३७॥ तीच जांणी आज्ञा मानली । वेळा भायलीय गाडी मेळयली । भोंवडीय सुखाची जाली । उरली याद जल्माची ॥३८॥ वर्सांचीं वर्सां भोंवप भिक्षेक । आवडचें कित्याक बाबांक । असो प्रस्न जर पडला कोणाक । आयकात घालोवपाक

---

१. शिरडीच्यान ही सुवात सुमार तीन मैल पयस आसा.

*हो अणभव स्वता ह्या चरित्रकाराकूच आयलो. सुरवातीक एकदां हे कुटुंबा सयत दर्शनाक आयिल्ले. परत वतना बाबां कडेन आज्ञा मागपाक गेले, बाबान सांगलें, 'भाकरी खावन दनपारा उपरांत वच.' पूण आयकलेंना. आगगाडी चुकतली म्हणून बैलगाडी नेटान स्टेशना वटेन सोडली. वाटेर अचकीत गाडयेचें एक चाकूच सुटलें आनी गाडी खळयेंत वचून पडली. नशीब बरें म्हूण सगले साल्वार जाले. पूण गाडी सारकी जाता म्हणसर आगगाडी चुकिल्ली. ताका लागून कोपरगांवांतूच खाणावळींत जेवन मागीर दुसरे गाडयेन मुंबय वच्चें पडलें.

तो दुबाव ॥३९॥ पळोवंक गेल्यार बाबांचें वागप । योग्यूच तांचे खातीर भिक्षा मागप । खोस दिवप हीत सादप । गृहस्थ कर्तव्य सादताले ॥४०॥ कूड वाचा चित्त वित्त । साईचरणांचेर जो ओंपीत । असो साईंचो अनन्यभक्त । आवडटालो भोव श्रीसाईंक ॥४१॥ जें जें अन्न शिजतालें आश्रमांत । स्वामी ताचो गृहस्थाश्रमांत । संन्याशी आनी जे ब्रह्मचर्याश्रमांत । तांकां ओंपूंक प्राधान्य ॥४२॥ तांकां आदीं दिनासतना दान । स्वता गृहस्थ जेन्ना करता सेवन । करपाक लागता [१]चांद्रायण । शास्त्रनिर्बंधन [२]त्रिशुद्धी ॥४३॥ संन्याशी ब्रह्मचारी हांचे विशीं । निशेध सांगल्या रांदपाची कृती । ते करपाक गेले चांद्रायण तरी । आदळटलें खात्रेन तें तांच्या माथ्यार ॥४४॥ म्हणुनूच वेवस्था तांच्या पोटाची । शास्त्रान दिल्या गृहस्थां हातीं । करिनात उद्‌देग संन्याशी । पोट भरपा खातीर केन्नाच ॥४५॥ बाबा न्हय गृहस्थ । वा न्हय [३]वानप्रस्थ । ते फकत ब्रह्मचारी बाळ संन्यस्त । भिक्षाच योग्य तांचे खातीर ॥४६॥ पुराय विश्व म्हजें घर । हांवूच वासुदेव विश्वंभर । हांवूच परब्रह्म अक्षर । हो दृढबोध निर्धार जांचो ॥४७॥ भिक्षा अन्नाचो पूर्ण अधिकार । ताका विश्व हेंच कुटुंब खरोखर । हेरांचे विडंबण प्रकार । चवाट्याचेर पळोवचे ॥४८॥ आदीं सोडची पुत्रप्राप्तीची इत्सा । मागीर वित्तइत्सा लोकेत्सा । अश्यो जाणें सोडल्यात तिनूय इत्सा । ताणेंच धरची इत्सा भिक्षेची ॥४९॥ नाजाल्यार ''भिक्षापात्र अवलंबणें । जळो जिणें लाजिरवाणें''। म्हाराज तुकोबांचें गाणें । अर्थाविणें हें [४]निस्सार ॥५०॥ साई समर्थ म्हान सिद्ध । ल्हानव्हडां मदीं हें प्रसिद्ध । पूण आमीच सदां आशाबद्ध । अन्नद्ध

१. पुनवेक पंदरा उंडयो खावप आनी उपरांत वद्य पक्षांत दीसपट्‌टी एक एक उंडी उणी करीत वचून शुक्ल पक्षांत एक एक उंडी वाडोवप अशे तरेचें व्रत.

२. कूड, उतर, मन हांची शुद्धताय. ३. चार आश्रमां मदलो तिसरो. ४. सार नाशिल्लें.

सत्पदीं ॥५१॥ पंचमहायज्ञावीण । गृहस्थाक जें निंद्य जेवण । तें शिरडींत सदांच पवित्र भोजन । स्वता करून घेत श्रीसाई ॥५२॥ स्वता पांच घरांनी वचत । अतिथी यज्ञाची याद दीत । भाग्यवान ताचो लाभ घेत । घरांत बशिल्ले कडेन ॥५३॥ सोंपोवन जे पंचमहायज्ञ । उश्टें अन्न करता सेवन । अज्ञात 'पंचसुना' पापगहन । तांचें निर्दहन तातूंतल्यान ॥५४॥ कांडप चूल दळण । उदक भरप शेण सारवण । हीं पंचसुना ह्या नांवान । आसात प्रसिद्द लोकां मदीं ॥५५॥ उखळांत धान्य दाणे घालून । वयल्यान मुसळान मारून । कल्लां कोंडो उडयता काडून । जाता नकळटना जीवहिंसा ॥५६॥ प्रक्रिया इतली जाले वीण । पचनाक पडना तें धान्य । पंच सुनेंत हें पयलें पाप म्हणून । नांव ताका 'कांडप' ॥५७॥ चुलीक जळोव लाकडां लायलीं । ताणें शिजोवपाची कृती जाली । थंयसरूय नकळटना जिवहत्त्या घडली । पाप दुसरें जाचें नांव 'चूल' ॥५८॥ घेवन दांतणी वा दांतें । कोणूय पीठ करता तेन्ना धान्याचें । नकळटना घडटा पाप जिवहत्त्येचें । 'दळण' अशें नांव ताका ॥५९॥ बांय वा तळये वयल्यान । उदक हाडटकूच कळसुलेंतल्यान । तशेंच दादले बायलो येतकूच उमळून । मरतात जीव असंख्य ॥६०॥ तांबयो कळसुली निवळ करूंक । हात हालतां घांसूंक पुसूंक । इत्शे आड लागतात जीव मरूंक । पाप चवथें 'उदक भरप' ॥६१॥ तशेंच हून उदकान न्हाण । करता तेन्ना शेण सारवण । जायते जीव जे वतात मरून । 'शेण सारवण' हें नांव ताका ॥६२॥ ह्या पांच पाप निर्मुक्तींक । पंचमहायज्ञ गृहस्थाक । लागतात पंचसुना पयसावपाक । चित्तशुद्धी मेळटा ताका ॥६३॥ चित्तशुद्धीचें हेंच बळ । शुद्धज्ञान मेळटा निर्मळ । ज्ञाना उपरांत मोक्ष अढळ । पावता सफळ भाग्याक ॥६४॥ आतां पुरो हें साईंचें भिक्षाव्रत । बरयतां बरयतां वाडलो ग्रंथ । आयकात एक कथा सार्थ । अध्याय

सोंपोवया मागीर ॥६५॥ भावार्थ आसचो मनांत खर । कोणाय कडेन कितेंय धाडल्यार । हाडप्याक जरी पडलो विसर । बाबा यादीन मागताले ॥६६॥ जावं [1]दुदफेणो भाजी भाकर । भक्तीभाव आसचो खर । भक्त खरो असो मेळटकर । उमाळो बाबांक प्रेमाचो ॥६७॥ अशीच प्रेमळ भक्तीची कथा एक । आयकतना आनंद जातलो मनाक । कोणूय चुकत जर आपणायिल्ल्या कार्याक । बाबाच रस्तो दाखयताले ॥६८॥ अशी ही गोड शिक्षणपद्दत । योग्य वेळार जागृती दीत । धन्य भाग्याचे जे हे अणभवीत । खोस तांची अवर्णनीय ॥६९॥ भक्तश्रेश्ठ रामचंद्र नाम । बापूय जांचे आत्माराम । तर्खड तांचें उपनाम । विश्रामधाम साई जांकां ॥७०॥ पूण जांकां वळखत ज्या नांवान । तें बाबासाहेब तर्खड म्हणून । ताचोच उल्लेख करून । चलोवया पोथी ही मुखार ॥७१॥ साईभक्तीच्या उमाळ्यान । तर्खड जेन्ना वताले भरून । करपाक लागताले अणभव कथन । कितले म्होंवाळ तें आयकुपाक ॥७२॥ केदें ऐश्वर्य तांचे भक्तीचें । पावला पावलार अणभव श्रीसाईंचे । एका फाटल्यान एक अशे । प्रसंग उबे करीत प्रत्यक्ष ॥७३॥ बाबासाहेबान प्रेमान उपाट । साईंची चित्रप्रतिमा घरांत । भव्य चंदनाच्या देवाऱ्यांत । स्थापन केल्ली पुजे खातीर ॥७४॥ तर्खड व्हड भाग्यवान । पुतूय मेळिल्लो श्रद्धावान । साईंक दाखयले बगर निवेद्य आपूण । जेविनासलो तो केन्नाच ॥७५॥ सकाळीं न्हावन धुवन । काया वाचा मनांतल्यान । करतालो मुर्तीचें पुजन । दाखयतालो भक्तीन निवेद्य ॥७६॥ हो ताचो नित्यक्रम । चलिल्लो आसतना [2]अविश्रम । जालो सफळ परिश्रम । आयलो अणभव आगळो ॥७७॥ आवयूय साईंची परम भक्त । शिरडीक वचपाक जाली इत्सूक । पुतान वच्चें तिच्या

१. पेढो. २. खंड पडनासतना.

सांगाताक । दिसलें मनाक बापायच्या ॥७८॥ इत्सा तिची शिरडीक वच्चें । समर्थ श्रींचें दर्शन घेवचें । थंयच कांय दीस रावचें । करची स्वता सेवा चरणांची ॥७९॥ बापायचो जरी आसलो हेत । वचपाचें नासलें पुताच्या मनांत । कोण फाटल्यान पुजा घरांत । करतलो हाचो हुसको ताका ॥८०॥ बापूय प्रार्थनासमाजिश्ट । तांकां मुर्तीपुजेचे कश्ट । दिवप कशें जातलें [१]इश्ट । पडिल्लो प्रस्न पुताक ॥८१॥ तरी वळखून बापायचो हेत । तयार जालो वचपाक पूत । आदरान तांकां कितें सांगीत । आयकात तें आतां तुमी ॥८२॥ साईंक दाखयनासतना निवेद्य पान । घरांत कोणूच घेवचे नात अन्न । हें इतलें केले बगर मान्य । वचपाक मन येना म्हजें ॥८३॥ पुताचो हो नेम अखंडपणान । बापायक जाणीव पूर्णपणान । ''चल हांव निवेद्य दाखयन'' । दिलें आस्वासन ताणेन ॥८४॥ ''साईंक निवेद्य दाखयले बगर । कोणूच जेवचो ना हें म्हजें उतर । प्रमाण मानून सर तूं भायर । वच तूं हुसक्यामेकळो'' ॥८५॥ अशें मेळटकूच उतर । पूत वचपाक सरलो भायर । फुडें दुसरो दीस उजवाडटकर । तर्खड पुजेक बसले स्वता ॥८६॥ बाबासाहेब तर्खडान । पुजेचे सुरवातिकूच घालून । त्या फोट्या मुखार लोटांगण । सांगलें नमळायेन बाबांक ॥८७॥ पूत जशी करता पुजा । जावची ना म्हज्यान हे राजा । तरी पावन करून घे म्हाराजा । प्रेम अंतरीं दाखय म्हाका ॥८८॥ फांतोडेर न्हावन धुवन । अशे प्रार्थने सयत पुजन । करपाक लागले तर्खड नेमान । यथायोग्य दाखोवन निवेद्य ॥८९॥ निवेद्या खातीर खडीसाकर । बाबासाहेब ओंपताले पुजे वेळार । एक दीस तांकां पडलो विसर । चुकलो नेम निवेद्याचो ॥९०॥ वेव्हाराचे गडबडींत । तर्खड नेम चुकत । दाखयनासतनाच निवेद्य । केलें

१. योग्य.

जेवण सगल्यांनी ॥९१॥ गिरणींत एके व्हड । मुख्याधिकारी आसले तर्खड । म्हणून सकाळीं फुडेंच गडबडींत । वताले ते सदांच ताकतिकेन ॥९२॥ फुडें मागीर दनपार जातकूच । भायल्यान परत येतकूच । साकरीचो निवेद्य दाखयतकूच । बसताले ते जेवपाक ॥९३॥ असो सदांचो नेम आसतना । पडलो एकदां विसर मना । जेवले निवेद्य दाखयनासतना । चुकले घेवपाक प्रसाद ॥९४॥ बसतकूच जेवपाक घेवन पान । साकरी सयत सगलें जेवण । रांदपीण वाडटाली नेमान । तीच खरी अन्नशुद्दी ॥९५॥ पूण त्या दिसा पुजे वेळार । कसलो तरी जावन बोवाळ । उरलो दाखोवपाचो निवेद्य साकर । प्रसाद दिसलोना पानाचेर ॥९६॥ तर्खडांक आपली चूक कळ्ळी । दोळ्यांतल्यान तांच्या दुकां गळ्ळीं । हात जोडून माफी मागली । बशिल्ले कडेनूच श्रीसाईंची ॥९७॥ बाबा कसो हो गुन्यांव घडलो । कसो म्हाका विसर पडलो । निवेद्य दाखोवपाचो उरलो । करात माफ आतां तुमीच ॥९८॥ चूक न्हय ही महापाप । जाला ताचो व्हड पच्छताप । चुकलों चुकलों हांव निश्पाप । जावचें म्हजेर कृपावंत म्हाराजा ॥९९॥ घालें लोटांगण फोट्या कडेन । दुख्खान कळवळ्ळें अंतस्कर्ण । म्हणलें म्हाराजा दयाघन । करात रे काकुळट म्हजी आतां ॥१००॥ मजकूर हो सगलो बरोवन । पुताक धाडलें पत्र ताकतिकेन । 'घडलें पाप म्हजे कडल्यान । करपाक सांग माफ बाबांक' ॥१०१॥ ''दया करात ह्या अनन्य शरणाक'' । धर काकुळटेन तांच्या चरणांक । माग तांच्या आशिर्वादाक । माग माफी बाबांची ॥१०२॥ वांद्रें गांवांत हो प्रकार । शिरडी पयस कोस [१]शंबर । रोखडीच थंय पावली खबर । आयकात ते उद्गार बाबांचे ॥१०३॥ भूत भविश्य वर्तमान । देश काळ हें नगण्य । साईम्हाराजांक त्रिकालज्ञान ।

१. सुमार ५० मैल.

पळयात हातूंतल्यान प्रत्यक्ष ॥१०४॥ हेवटेन आसतना पूत शिरडीक । त्याच वेळार त्या दिसाक । गेल्लो तेन्ना साईंच्या दर्शनाक । आयकात घडलें कितें मुखार तें ॥१०५॥ पूत व्हड भक्तीभावान । दर्शनाक गेलो आई सांगातान । साईन तिका सांगलें तें आयकून । अजापीत भोव जालो तो ॥१०६॥ ''कितें सांगूं तुका आई आयज । गेल्लों सदांचे वरी हांव वांदऱ्याक । मेळळेंना कांयच खावपाक पियेवपाक । येवचो पडलो उपाशींच ॥१०७॥ कसो पळय हो [1]ऋणानुबंध । आसलें जरी दार बंद । भितर सरलों हांव स्वच्छंद । कोण म्हाका आडायतलो ॥१०८॥ धनी मेळळोना घरांत । भुकेन चुरचुरे म्हज्या पोटांत । पूण तसोच दनपारच्या खर वतांत । परतलों हांव उपाशींच'' ॥१०९॥ बाबांचीं तीं उतरां पडटांच कानांत । पुताच्या रोखडेंच आयलें लक्षांत । बापूय चड करून विसरलो आसत । दाखोवपाक निवेद्य आयज ॥११०॥ पुतान केली विनवणी बाबांक । मागली आज्ञा घरा वचपाक । बाबांनी दिलेंना ताका वचूंक । थंयच घेतली पुजा करून ॥१११॥ त्याच दिसा शिरडीच्यान । धाडलें पत्र बरोवन । रडलें बापायचें अंतस्कर्ण । वाचून तें पळयतना ॥११२॥ हांगाचें पत्र थंय पावलें । पुताकूय अजाप जालें । ताचेय दोळे भरून आयले । दुकां लागलीं गळपाक ॥११३॥ पळयात कसो हो खेळ साईंचो । कित्याक येवचो ना ओतो भक्तीप्रेमाचो । कोण असो आसतलो पाशाणाचो । जाचें रडचें ना काळीज ॥११४॥ ह्याच पुताचे मोगाळ आईक । एकदां आसतना शिरडीक । अनुग्रह केलो बाबा साईन । नवल तें आयकात ॥११५॥ आसतना थंय जेवणाच्या आगरांत । पानां वाडपाची तयारी करीत । इतल्यान एक सुणो दारांत । उपाशीं दनपारचो

१. आपलेंपण.

पावलो ॥११६॥ आसली भाकर पानाचेर । अस्तुरेन उडयली सुण्या मुखार । इतल्यान रेबडान भरिल्लो दुकर । पावलो थंय भुकेल्लो ॥११७॥ प्रकार घडलो सभावीकपणान । अस्तुरेच्या नासलें ध्यानांत पसून । पूण दनपारां साईन । स्वताच काडलो तो विशय ॥११८॥ जेवणा सोंपले उपरांत । सदां भशेन मशिदींत । अस्तुरी जेन्ना येवन बसत । श्रीसाईन म्हणलें तिकाच ॥११९॥ ''आई आयज म्हाका जेवण वाडलें । तातूंत हें पोट उपाट भरलें । भुकेचे सामके वळवळे लागिल्ले । केलो धादोशी तुवें म्हाका ॥१२०॥ अशेंच करीत राव नित्य । हेंच उपकाराक पडटलें सत्य । मशिदींत बसून हांव असत्य । उलोवचों ना केन्नाच ॥१२१॥ अशीच म्हजी दया वळखुची । भुकेल्ल्याक पयलीं भाकर दिवची । मागीर आपल्या पोटाक खावची । उतरां हीं याद दवर म्हजीं'' ॥१२२॥ कितें सांगतात हे साई समर्थ । अस्तुरेक कळना जालो अर्थ । कितें आसुये हातुंतलो भावार्थ । उतरां निरर्थक नासतलीं केन्नाच ॥१२३॥ म्हणलें हांव तुमकां वाडटलीं अशें । म्हज्या हातांतल्यान तें घडटलें कशें । हांवूच [1]परतंत्र दिवन पयशे । खातां मेळत तें ॥१२४॥ ''खावन तुजी ती प्रेमाची भाकर । जालों हांव तृप्त [2]निर्भर । अजुनूय म्हाका येतात धेंकर'' । सांगलें तिका बाबांनी ॥१२५॥ ''तूं बसली जेन्ना जेवपाक । भुकेन पोट तेंकिल्लें फाटीक । दारांत पळयलो तुवें ज्या सुण्याक । ताचे भितर वसलां हांवूच ॥१२६॥ तसोच आंगभर चिखोल सारिल्लो । तुवें जो दुकर पळयलो । भुकेन सामको वळवळटालो । एकरूप हांव ताचे कडेन'' ॥१२७॥ आयकून उतरां बाबांचीं । अजापीत स्थिती अस्तुरेची । सुणीं दुकर माजरां वावुरतात तीं । रुपां सगलींच काय कितें श्रीसाईंचीं ॥१२८॥ ''केन्ना हांव

१. दुसऱ्याच्या ताब्यांत. २. पुराय.

सुणो केन्ना दुकर । केन्ना गाय केन्ना माजर । केन्ना मूय मूस जलचर । वावुरतां हांव अशा रुपांनी ॥१२९॥ पळयतलो म्हाका भूतमात्रांत जो । तोच समजात म्हजे प्रितीचो । तरी तूं त्याग करून भेदबुद्धीचो । अशीच भक्ती कर म्हजी'' ॥१३०॥ वचन न्हय हें परम अमृत । पियेवन अस्तुरी जाली सद्‌गदीत । दोळे खोसयेच्या दुकांनी भरीत । धरले चरण साईंचे ॥१३१॥ अशीच आनीक हे अस्तुरेची । कथा सुंदर प्रेमरसाची । समर्थ साईंचे भक्त ऐक्यतेची । एकात्मतेची नीजखूण ॥१३२॥ घेवन घरकान्नीक आनी भुरग्यांक । पुरंदरे एकदां वताले [१]शिरडीक । धाडलीं तांचे कडेन बाबांक । वायंगीं तिणें प्रेमान ॥१३३॥ केली विनंती तांचे घरकान्नीक । भर्त करचें एकाचें बाबांक । दुसरें दवरचें कापां करपाक । तळून वाडचें तांकां भरपूर ॥१३४॥ बरें म्हणून वायंगीं घेतलीं । अस्तुरी जेन्ना शिरडीक पावली । आरती उपरांत घेवन गेली । जेवपा वेळार भर्त ॥१३५॥ सदचे प्रमाण निवेद्य दाखोवन । अस्तुरी गेली ताट दवरून । सगल्यांचे निवेद्य एकठांय करून । बसले बाबा जेवपाक ॥१३६॥ भर्त तोंडांत घालतकूच । रुचीक लागलेंशें दिसलें समेस्तांक । कापां खावचींशें दिसलें मनाक । सांगलें आतां हाडात म्हणून ॥१३७॥ निरोप गेलो राधाकृष्णीक । बाबा थांबल्यात जेवपाक । कापां खावचीं अशें दिसलां मनाक । करचें कितें कळना ॥१३८॥ नासलो मोसम तो वांयग्यांचो । कसो आतां हो पदार्थ करचो । सोद पुरंदऱ्यांचे घरकान्नीचो । आनीक भर्ताचो जालो सुरू ॥१३९॥ तिणें हाडिल्लें जें ताट । भर्त आसलें तातूंत । आसुंये तिच्या सामानांत । घडये आनीक वांयगें ॥१४०॥ म्हणून तिका विचारलें । तिणें घडिल्लें सगलें सांगलें । तेन्ना बाबांनी कापां मागपा फाटलें । कळळें कारण

१. रघुवीर भास्कर पुरंदरे म्हूण श्रीचे एक भक्त वांदऱ्याक रावताले.

समेस्तांक ॥१४१॥ अस्तुरेन म्हणलें भर्त जालें । एकाचें दनपारां अर्पण केलें । कापां मागीर व्हरपाचें चिंतलें । दुसरें तें चिरलें ते खातीर ॥१४२॥ फुडें ही खबर वांयग्याची । समेस्तांक जेन्ना पूर्ण कळळी । पळोवन व्यापकताय श्रीसाईंची । अजापले सगलेच मनांत ॥१४३॥ आनीक एकदां डिसेंबरांत । वर्स एकुणीसशें पंदरांत । हेच अस्तुरेन व्हड भक्तीभावांत । धाडलो दुदफेणो बाबांक ॥१४४॥ बाळाराम अंतरिल्ले । क्रियाकर्म तांचें करपाचें आसलें । पुताक तांच्या वच्चें पडलें । विचारपाक शिरडीक ॥१४५॥ वतां म्हूण सांगपा खातीर । पूत आयलो तर्खडांगेर । ताचे कडेन बाबां खातीर । कितेंय धाडचेंशें दिसलें तांचे घरकान्नीक ॥१४६॥ दुदफेणो सोडल्यार कांयच आनीक । नासलें घरांत त्या खिणाक । तातूंत त्या पुताक । ताकतीक आसली वचपाची ॥१४७॥ ते भायर तो भुरगो सुतकांतलो । दुदफेणो आसलो तोय उश्टायिल्लो । विचार मनाक पटनासलो । तो धाडपाक श्रीसाईंक ॥१४८॥ म्हणलें दुसरें ना कांयच । होच आतां घेवन वच । भक्तीभावान दी तोच । खातले साई आवडीन ॥१४९॥ [१]गोविंदजीन दुदफेणो व्हेलो । पूण जेन्ना दर्शनाक गेलो । गडबडीन तो बिराडार उरलो । धरलो धीर तेन्ना बाबांनी ॥१५०॥ फुडें जेन्ना सांजवेळार परत । भुरगो तो गेलो दरबारांत । रित्या हातांनी पावलो मशिदींत । विसरलो आदले वरीच दुदफेणो ॥१५१॥ ''म्हजे खातीर हाडलां कितें'' । बाबांनी ताका विचारलें । ''कांय ना'' म्हूण ताणें सांगलें । तेन्ना बाबांनी केली याद ताका ॥१५२॥ ''कोणेंय कितेंय तुजे कडेन । धाडिल्लें व्हय म्हाका दी म्हणून'' । ''ना'' म्हणटकूच साई समर्थान । विचारलो प्रस्न स्पश्ट ॥१५३॥ ''आरे येतना घरा कडल्यान । दिवंक नासलो व्हय तुजे

१. बाळाराम मानकर म्हूण बाबांचो एक भक्त आसलो तांचो हो पूत.

कडेन । दुदफेणो आईन मोगान'' । तेन्ना ताका जाली याद ।।१५४।। सामकोच तो लजेक पडलो । असो कसो आपूण विसरलों । बाबांची माफी मागपाक लागलो । दवरून माथें चरणांचेर ।।१५५।। तसोच बिराडार धांवलो । दुदफेणो हाडून बाबांक दिलो । हातांत पडनाफुडेंच तोंडांत घालो । भक्तीन तृप्त जाले आईचे ।।१५६।। असो हो साई महानुभाव । जाच्या मनांत जसो भाव । ताका तसो दिवन अणभव । वाडयताले भोवमान भक्ताचो ।।१५७।। निमाणें ह्या कथांचो हेत । आदितत्वांत पळोवचो भगवंत । हेंच सकलशास्त्र संमत । होच सिद्धांत हांगाचो ।।१५८।। आतां फुडल्या अध्यायांत । कळून येतली बाबांची जिणेपद्दत । कशे ते न्हिदताले खंयचे सुवातेंत । घेयात आयकून भक्तीभावान ।।१५९।। हेमाड साईचरणांचेर शरण । श्रोत्यांनो आदरान करात मनन । केल्यार कथेचें नित्य चिंतन । जातलें कृतकल्याण सगल्यांचें ।।१६०।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । हो णववो अध्याय सोंपता हांगाच* ।।

।। श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ।। शुभं भवतु ।।

❍ ❍ ❍

टीप – श्री साईनाथांच्या एका सद्‌भक्तान सुचयलां ते प्रमाण ह्या अध्यायाचो विशय हेमाडपंतांचे सदांचे पद्‌दती प्रमाण निमणे ओंवयेंत दिल्लो ना. तो विशय ''आज्ञा-अवज्ञा-विघ्नं, पंचसुनादी पापक्षालनं तशेंच भक्त तर्खड कथा निरुपण'' आसपाक जाय.